# प्रादेशिक खबरो

10.०९.२०२५ ७.20 pm

- दिवार जुव्याचेंरअशिल्या पोरणे सप्तकोटेश्वर मंदिर सुवातेर 10 हजार चौखण मिटर जागेत कोटी तिर्थ कोरीटडर उबारपाच्या निर्णयाक आयज गोंय मंत्रिमंडलान मंजुरी दिल्या
- गोंय मंत्रीमंडळान 2025 वर्साच्या भारतीय रेसिंग महोत्सवा खातीर मुरगांव स्ट्रीट सर्किटाक चवथ्या फेरयेचें स्थळ म्हूण मान्यताय दिल्या.
- नवो सभापती वेंचपा खातीर गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी 25 सप्टेंबराक खाशेलें विधानसभा अधिवेशन आपयल्या
- **THE GOA STATE lologistic and warehousing INCENTIVE SCHEME** ह्या येवजणेक मंत्रिमंडळाची मान्यताय

<u>रश्मी 70</u>

दिवार जुव्याचेंर अशिल्या पोरणे सप्तकोटेश्वर मंदिर सुवातेर **10** हजार चौखण मिटर जागेत कोटी तिर्थ कोरीटडर उबारपाच्या निर्णयाक आयज गोंय मंत्रिमंडलान मंजुरी दिल्या . पोर्तुगीज राजवटीच्या काळात राज्यातली सुमार १ हजार देवळा उध्वस्त जाल्ली. अशा देवळांची म्हायीती मेळोवपी अहवाल गोंय पुरातत्व खात्यान चालीक लायिल्लो. ह्या अहवालात दिवाडेच्या आदल्या सप्तकोटेश्वर देवळाच्या सुवातीचोय आसपाव आसलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.गोंय साधन सुविधा उदरगत म्हमंडळावतीन तीर्थ कोटी कोरीडोराचे काम जातले अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

<u>रश्मी 110</u>

गोंय मंत्रीमंडळान **2025** वर्साच्या भारतीय रेसिंग महोत्सवा खातीर मुरगांव स्ट्रीट सर्किटाक चवथ्या फेरयेचें स्थळ म्हूण मान्यताय दिल्या. हे खातीर **176** कोटी खर्च येतलो. साधन सुविधा उबारपाखातीर सरकार ह्या खर्चातलो **50** टक्के मजत करतली जाल्यार संबंधित उरलेलो **70** टक्के खर्च ह्या सर्तीचे आयोजक

करतले.सर्तीच्या वेवस्थापनाकडे **3** वर्साखातीर कबलात जाल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्या वेलार दिल्या. पर्यटकांक आर्कर्शित करपाच्य नदरेतल्यान ही सर्त महत्वाची थारतली अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.**31** ओक्टोबर ते **2** नोव्हेबंर ह्या काळात ह्या सर्तीचे आयोजन जातले.

तशेच लोखण धातुच्या डंप वेवस्थापन आनी हाताळणी विशीं सरकाराक सल्लो दिवपा खातीर द एनर्जी अँड रिसोर्स इन्स्टिट्यूट (टेरी) कडे कबलात करपाचो निर्णयाक आयज मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांण दिल्या.

रश्मी ९०

कॉँग्रेसीचो आमदार एल्टोन डी'कोस्टा हाणी विरोधी पक्षाचे उमेदवार म्हणून सभापती पदाचेर आयज उमेदवारी दाखल केली. ही वेंचणूक 25 सप्टेंबराक जावपाची आसा. विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, कॉँग्रेसीचे आमदार कार्लोस फेरेरा आनी आपचे आमदार व्हेंझी व्हिएगश आनी क्रूझ सिल्वा हांच्या हाजिरेंत डी'कोस्टा हाणी आपली उमेदवारी दाखल केली. इतले मजगती सभापती पदाचेर भाजपाचो उमेदवार 23 सप्टेंबराक उमेदवारी दाखल करतलो अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी बिरेस्तारा सांगलें, उमेदवारी दाखल करपा खातीर 23 सप्टेंबराक मुहुर्त आसा अशें तांणी सांगलें. नवो सभापती वेंचपा खातीर गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी 25 सप्टेंबराक खाशेलें विधानसभा अधिवेशन आपयल्या.

रश्मी 90

सुधारीत जीएसटी कराचो फायदो डेअरी वेवसायक लेगीत बरो जातलो. सरकारान दुध, बटर, तशेंच दुदांचेर हेर जिन्नसावेले कर कमी केल्यान सामान्य मनशांक आता तो परवडपी मोलान उपलब्ध जातलो अशे मत वास्कोचे काशी डेअरीचे मालक मुन्नालाल हलवाई हांणी उक्तायला. तशेंच सरकारान शेतकी पिकावलीचेर लागु करपी **1** टक्के कर कपात करची, आनी गोंय पशुसंवर्धन खात्यावतीन दुदाचेंर प्रति लिटर **15** पैशे जो कर लायतात तो काडचो, हाका लागुन डेअरी प्रोडक्टस आनीक सवाय जांवन सर्वसामान्याक ते परवडपी मोलान उपलब्झ जांवक शकतले अशें तांणी म्हणला. तरणाट्यांक ह्या डेअरी वेवसायात

येवपाक आकर्शित करपाक सुधारीत **gst** चो व्हड वाटो आसतलो अशे मुन्नालाल हलवाई हांणी म्हणला.

रश्मी 150

थळाव्या रोजगाराचेर लक्ष केंद्रीत करून आणि  गोवा एक व्हड वेपारी केंद्र जावचे गोंय **THE GOA STATE lologistic and warehousing INCENTIVE SCHEME** हया येवजणेक मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. उण्यांत उणे **60%** गोंयकार कामगारांक काम दिवपी कंपनींक पुराय फायद्या खातीर पात्र थारतले, जाल्यार **40%–60%** गोंयकारांक कामाक घेवपी कंपनींक आंशिक फायदे मेळटले. येवजणे खाला प्रोत्साहनांत **₹50** लाख मेरेन भांडवल गुंतवणूक अनुदान, तीन ते पांच वर्सां खातीर मुदत रिणाचेर **50%** कळतर अनुदान, मुद्रांक शुल्क आनी नोंदणी शुल्काची **100%** परतफेड, आनी **cold chain** युनिटां खातीर **100%** वीज शुल्क परतफेड हांचो आस्पाव जाता. ते भायर, दर गोंयकार कामगाराक **₹5,000** कुशळटाय उदरगत अनुदान दितले, तशेंच गुणवत्ता प्रमाणीकरणा खातीर अनुदान, **logistic and warehousing** खातीर सॉफ्टवॅर अपग्रेड करपा खातीर **₹2** लाख मेरेन अनुदान, आनी **₹5,000** मेरेन ट्रॅकिंग सेवा आदार दितले. मेगा प्रकल्पां खातीरय हे येवजणेंत आसपाव केला. **warehouse and logistic** येवजण आनीकुय सुटसुटीत जावंक जाय अशे मंत्री मावीन गुदिन्ह हांणी म्हळां **byte**

रश्मी 90

ॲप एग्रीगेटर बाबतीन टॅक्सी ऑपरेटरांक विस्वासांत घेतलो अशे जेन्ना सरकारान स्पश्टपणान सांगलां तेन्ना गोंय विधानसभा भायर निशेध करपाचो प्रस्नुच येना.टॅक्सीकारांनी सरकार आनी म्हजेर विस्वास दवरचो. आमी **taxi app aggregator** मसुद्याचेर परतून काम सुरू जाला.हो मसुदो तयार जाले उपरांत पयलीं टॅक्सी संघटनेच्या जाळवणदां कडल्यान सल्लो घेवपाक तांका आपयतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.टॅक्सी वेवसायीकांनी सचीवालया भायर येवन रावून गरजे भायर स्वतचो वेळ पेड्यार करचो न्ही. अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

आयज गोंयच्या टॅक्सी वेवसायीकांनी सचीवालय परीसरात गर्दी केल्ली.**taxi aggregator app** वीशी सरकारान कीते निर्णय घेतला ताचेवीशी कळपाखातीर टॅक्सीकार एकठाय आयील्ले.

प्रसाद 75

१४ व्या राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तका निमतान दिवचल शारांतल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी रस्तो सुरक्षे संबंदी जागृतायेच्यो वेगवेगळ्या कार्यावळींचे आयोजन जालें. 'अपघात जाल्यार दूख, सुरक्षीत रावल्यार सूख ' ह्या विषयाचेर निबंद सर्त चित्रकला सर्त आणि  हेर सर्ती घडोवन हाडल्यो.
८ सप्टेंबर ते १४ सप्टेंबर २०२५ ह्या काळांत १४व्या  राज्य रस्तो सुरक्षा सप्तकाच्यो कार्यावळी पुराय राज्यांत जातल्यो अशे सांगताना येरादारी पोलीसानी सांगले की दरेकल्यान नेमांचे पालन करपाक जाय.हे कार्यवळीक दिवचल पोलीस निरीक्षक, विजय सरदेसाई, प्राचार्य अनिता आगरवाडेकर हजर आसले.

DIP 85

राज्यांतल्या भौशीक गणेशोत्सव मंडळां खातीर कला आनी संस्कृती संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या राज्य पांवड्यावेल्या देखवा सर्तीचो निकाल जाहीर केला. देखावो तयार करपाची पोरनी  परंपरा तिगोवन दवरप आनी उर्बा दिवन लोकांक आपली सृजनशीलताय दाखोवपाक एक माची मेळोवन दिवपाच्या हेतान ही सर्त घडोवन हाडल्या. अंदू देखावो सर्तींत वट्ट 19 भौशीक गणेशोत्सव मंडळांनी वांटो घेतिल्लो. पयलें इनाम ब्रह्मेश्वर युवक संघ अखाडा, सांतइस्तेव, दुसरें इनाम कोरगांव भौशीक गणेशोत्सव मंडळ, कोरगांव, पेडणे, तिसरें इनाम सांगे पुलीस स्टेशन, सांगें, चवथें इनाम भौशीक गणेशोत्सव मंडळ, कासरवणे पेडणे आनी पांचवें इनाम भौशीक गणेशोत्सव मंडळ, दिवचल हांका फाव जाले

DIP 40

ऑगस्ट २०२५ म्हयनो एमएसएमई म्हयनो म्हूण मनवपाच्या निमतान बँक ऑफ इंडियान आपल्या कॉर्पोरेट मुख्यालयांत उदयमी विकास महोत्सवाच्या बॅनरा खाला एमएसएमई गिरायक आऊटरीच कार्यावळ घडोवन हाडली. मुखेल सोयरे जीसीसीआयचे महासंचालक संजय आमोणकार हांणी सरकारी उपक्रमां वरवीं आनी कसटमायझ्ड बँकींग उत्पादनां वरवीं मेळपी फायद्या विशीं सहभागींक माहिती दिली.

DIP 50

गोंय विद्यापीठ टेबल टेनिस, योग  आणि सेपेक टेकरो  या विषयांमदी  पंगड तयार करपा खातीर निवड चांचण्यो/प्रीस्क्रीनिंग आयोजित करतले. 18 सप्टेंबर

क  टेबल टेनिसा खातीर निवड चांचण्यो दनपारां 3.00 वरांचेर **SAG** काम्पल इनडोर मल्टीपर्स स्टेडियम, पणजी, 19 सप्टेंबर क  योगा आनी 30 सप्टेंबर क सेपेक टेकरो खातीर निवड चांचण्यो सकाळीं 10.00 वरांचेर डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी इनडोर स्टेडियमांत जातली.

**IMD** 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता. वारे वराक 45 ते 55 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 65 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला